# शाश्वत खण उद्देग सुरू करपाक सरकार प्रयत्नशीलः मुख्यमंत्री

ता. 17 जून 2025

पर्यावरणाचो सांबाळ, शेतकार आनी थळाव्या लोकांचे हित सांबाळून शाश्वत खण उद्देग सुरू करपाक सरकाराचे प्रयत्न आसून राज्यांत खण उद्देग परत सुरू करतना सगळ्या गजालींचो विचार जातलो आनी त्या खातीर सरकार सगळ्या वेवसायिकांक विश्वासात घेतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरे खण खात्यान खण क्षेत्रांतल्या वेवसायिकांक संवेदनशील करपा खातीर गोंयांतल्या खनिजांचो सोद, आव्हांना, संदी आनी भविश्याचो मार्ग ह्या विशयाचेर आयोजीत एका दिसाच्या कार्यशाळेचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें.

राज्यांत खण उद्देग सुरू करतना शेतकारांचे हित आनी पर्यावणाचो सांबाळ करपा खातीर येवजण आखपा वांगडाच थळाव्या लोकांक रोजगार उपलब्ध करून दिवपा खातीर कुशळटाय विकासाचेर भर दिवपात येतलो. गोंयच्या खनिज संपत्तीचो थळाव्या लोकांक लाव मेळोवन दिवप तितलेच म्हत्वाचे आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोंयच्या जैवविविधतेची हानी टाळपा खातीर खण उद्देगांनी आधुनिक तंत्रज्ञान आनी वेवसायात पारदर्शकता राखपाची गरज आसा. तशेंच प्रत्येक उपक्रमात थळाव्या लोकांचो विचार जावपाक जाय, अशेंयतांणी सांगलें.

एमईसीएलचे संचालक (तांत्रिक) श्री पंकज पांडे आनी भारत सरकारच्या खाण मंत्रालयाचे उपमहासंचालक श्री. आर. विजय कुमार हांणी कार्यशाळेत सहभागी अधिकारी आनी खण वेवसायिकांक मार्गदर्शन केले.

मुख्य सचीव आनी खाण खात्याचे प्रधान सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, आयएएस हांणीय आपले विचार मांडले.

कार्यशाळेत खण उद्देगा संबंदीत तंत्रज्ञान आनी हेर विविध गजालींचेर चर्चा जाली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/550

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.